**वैजकीय उपकरणांची विक्री, स्टॉक, प्रदर्शन आनी वितरणाखातीर नोंदणी प्रमाणपत्र सक्तीचें**

ता. 10 नोव्हेंबर 2022

केंद्र सरकारान 30 सप्टेंबर 2022 च्या राजपत्रातल्या अधिसूचोवणी वरवीं अधिसूचित केला की जर वैजकीय उपकरणां नियम 2017 च्या नियम 87 च्या उपनियम (1) खाला आस्थापनाकडेन परवानो नासल्यार विट्रो डायग्नोस्टिक वैजकीय उपकरणांसयत वैजकीय उपकरणांची विक्री, स्टॉक, प्रदर्शन वा विक्रीखातीर ऑफर वा वितरण करपाखातीर MD 42 अर्जातले नोंदणी प्रमाणपत्र सक्तीचें केला, अशें अन्न आनी वखदां प्रशासन संचालनालयान कळीत केला.

वयल्या राजपत्र अधिसूचोवणेची प्रत www.dfda.goa.gov.in ह्या FDA च्या अधिकृत वेबसायटीचेर अपलोड केल्या.

नोंदणी प्रमाणपत्राच्या अर्जाखातीर आवश्यक आशिल्ल्या कागदपत्रांचीय यादी लेगीत वेबसायटीचेर अपलोड केल्ली आसा. सगळ्यां संबंदीत वितरक/पुरवठादारांनी अशें नोंदणी प्रमाणपत्र 15 दिसांभितर ह्या संचालनालयाकडल्यान मेळोवचे.

म्हा /सप/ प्रना/ विगां/ 2022/694

--
Issued by Department of Information & Publicity

Department of Information & Publicity
3rd Floor, Udyog Bhavan,
Near Azad Maidan, Panaji